प्रादेशिक खबरो

२६०८२०२५ @ ७.25 am

RASHMI 50

फाळणेवेळार स्थलांतरीत जांवन पाकीस्तानी  नागरीक जाल्लया BRENDON CRASTO ह्या मुळ गोंयकार नागरीकांक CAA  कायद्यावरवी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात जाल्या कार्यावळीत औपचारीक रित्या भारतीय नागरीकत्व दिले..

आपणाक खुब उसरा भारतीय नागरीकत्व मेळ्ळे, भारतीय नागरीकत्व दिल्लया खातीर हांव केंद्र तशेच राज्य सरकाराचो उपकारी अशी प्रतिक्रिया ब्रेण्डन हांणी ह्यावेळार  उक्ताय्ली

RASHMI  80

चवथीच्या फाटभुयेर येरादारीची कोयंडी जावची न्ही तशेंच सुरळीत येरादारी सुरु उरची म्हण पर्वरे ओ-कोकेरो सर्कल ते मॉल द गोवा मेरेनचो मुखेल म्हामार्ग उड्डाण पुलाच्या चालू बांदकामा खातीर बंद दवरप फुडे धुकल्ला. पाच दिसा उपरांत वेवस्थित आखणी आनी नियोजन केल्या उपरांत हे काम सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

माटोळी तशेंच चवथीक लागपी वस्तु विकपी  गोंयकार- मनशाकडल्यान सोपो घेवचो न्ही, म्हण नगर नियोजन खात्यान तशेच पंचायत खात्यान परिपत्रक  काडला .ह्या पसरकारांकडल्यान सोपो घेंवचे ना अशे परतुन एकदा मुखेलमंत्र्यान स्पश्ट केला..

LAPTOP  ROHAN  70

अनुसुचित जाती ,आनी अनुसुचित जमातींच्या गुणेस्त विद्याथ्यांक म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्यावरवी लॅपटोप भेटयले

आधुनिकते वांगडा एकरुप  जांवन विकसित भारत विकसित  गोंय करपाच्य हेतान सरकारान ही पावला उबारल्यात.  ह्या वेळार उलयतना म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणले

आताचो काळ  हो तंत्रगितज्ञानाचो, ताका लागुन डीजीटली सक्षम आसप महत्वाचे. अपडेटेड तंत्रगिन्यानाची म्हायती विद्याथ्यांक आसल्यार ते डीजीटल सक्षम पीळगी घडुंक शकता अशे मत ह्यावेळार आयटी म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी दिवचलचे आमदार  दोतोर चंद्रकांत शेट्ये हांणी व्यक्त केला.

CHAVATH  BAZAR  100  SUBHASH

राज्यातल्या सगळ्या वाठारांनी चवथीच्या बाजारां खातीर  गर्दी वाडत आसा. घुमट , शेमेळ अशीं गोंयकारांची आरतींची वाद्यां लेगीत बाजारांनी विक्रेक येवंक लागल्यांत. बाणस्तारी चवथीचो खास बाजार भरला. सुपारेचें शिपटें , नाल्लाची पेंड , फागलां आनी हेर पारंपारीक सामान विकतें घेवंक खास करून लोक ह्या बाजारान येतात. आज  भाद्रपद शुद्ध तृतीया. म्हळ्यार तय. ह्या दिसा गोंयातल्या कांय घरांनी घरांतल्यो बायलो तयेची पूजा म्हळ्यार हरितालीका देवीचे व्रत करतात. दनपारां उपास करून सांजे व्रताची सांगता करपी कांय घरांनी ह्या पुजेची तयारी सुरू जाल्या.फाल्या  गणेश चतुर्थी - म्हळ्यार चवथ.. चडशें घरांनी देड दिस गणपती पुजतात. जाल्यार कांय घरांनी पांच सात णव वा इकरा दीस लेगीत गणपती दवरतात.

रश्मी/ गणेश 80

एकोणीशे अळ्यांणव वर्साच्या वीज सवलतीच्या घोटाळ्याच्या प्रकरणांत उत्तर गोंयच्या खाशेल्या न्यायालयान पंचायत तशेंच उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हांका निरपराधी थारायला. उत्तर गोंय जिल्हो आनी सत्र न्यायाधीश इर्शाद आगा हाणी मावीन गुदीन्हो हांचे सयत आदले मुखेल वीज अभियंते टी. नागराज, विठ्ठल भंडारी, आर. के. राधाकृष्णन, के. व्ही. एस. कृश्णकुमार हे आरोपी लेगीत निर्दोश थारायल्यात

तेन्नाचे वीजमंत्री मॉवीन गुदिन्हो आनी हेरांआड कागाळ नोंद जाल्ली. तपास जावन 2001 वर्सा आरोपपत्र दाखल जालें. 27 वर्सां उपरांत आपणाक न्याय मेळ्ळो, अशें पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी निवाड्या उपरांत म्हणला

स्पोर्ट्स 85

कुडचडेच्या गार्डीयन हायस्कूलान खेळा आनी युवा व्यवहार खात्यान आयोजित केल्या १७ वर्षां सकयल्या चल्याच्या आणि चलयाच्या आंतर शालेय केपे तालुका पातळीवेल्या सपेक टेकरोत जेतेपद मेळयले

हवामान 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.